# गोंयांत नुस्तेमारी वेवसायातलो पदवी अभ्यासक्रम सुरू करतले - मुख्यमंत्री

ता. 19 ऑगस्ट 2024

गोंयांत फुडल्या वर्सा सावन नुस्तेमारी वेवसायातलो पदवी अभ्यासक्रम सुरू करपाचो राज्य सरकाराचो विचार आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज नुस्तेमारी संचालनालयान पणजे नुस्तेमारी जेटीचेर सुता पुनवे निमतान आयोजीत कार्यक्रमात उलयतना सांगलें. ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री श्री. नीळकंठ हळर्णकर हांच्या उपस्थितीत दर्यात नाल्ल सोडून आनी दर्याची पुजा करून नुस्तेमारी हंगामाची सुरवात केली.

गोंयांत नुस्तेमारी वेवसायातलो पदवी अभ्यासक्रम सुरू जालो जाल्यार नुस्तेमारी वेवसायातले नवीन तंत्रज्ञान उपलब्ध जावपाक मदत जातली. सध्या गोंयांतले चार विद्यार्थी राज्याभायल्या कॉलेजीनीं नुस्तेमारी वेवसायातले पदवी शिक्षण घेतात आनी सरकार तांकां मदत करता, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

फुडें उलयतना मुख्यमंत्र्यान नागरीकांक गोंयच्यो न्हंयो नितळ दवरपाचो उलो मारून न्हंयांनी प्लास्टिक आनी हेर कोयर उडोवपाच्या लोकांच्या कृतीचेर हुस्को उक्तायलो. असो कोयर नुस्ते खाता आनी ताकां लागून न्हय फकत दर्यातल्या संपत्तीचेर परिणाम जाता, जाल्यार अशें नुस्ते खाल्ल्यान मनशाच्या भलायकेचेरय वायट परिणाम जाता, अशें सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक आपलो पारंपारिक नुस्तेमारी वेवसाय वाडोवपाचो आनी सांबाळून दवरपाचोय उलो मारलो.

नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री श्री. नीळकंठ हळर्णकर हांणी नुस्तेमारी समाजाक सुता पुनवेची परबीं दिवन नुस्तेमारी वेवसाय वाडोवपा खातीर राज्य आनी केंद्र सरकारा वतीन चालू आशिल्ल्या प्रयत्नांची म्हायती दिली. नुस्तेमारी समाजाच्या फायद्याखातीर खात्यावतीन वेगवेगळ्या येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. नुस्तेमारी वेवसायात सुदारणा करपा खातीर नवीन तंत्रज्ञान उपलब्ध करतात, अशें तांणी सांगलें.

सुरवातीक मुख्यमंत्र्यान प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा येवजणे खाला मत्स्य वाहिनी ई रिक्षा आनी मत्स्य आहार येवजणेचो शुभारंभ केलो. मत्स्य वाहिनी येवजणे खाला ई रिक्षांतल्यान नुस्ते विकपात येतले. मत्स्य आहार येवजणे खाला फीश फ्राय सारखे नुस्त्याचे पदार्थ मेळपी रेस्टोरंटा सुरू करतले.

तशेंच ह्या वेळार नुस्तेमारी खात्याच्या येवजणांचो लाव घेतिल्ल्या 15 लावधारकांक आर्थिक मदत भेटयली.

पणजीचे मेयर श्री. रोहित मोन्सेरात, नुस्तेमारी खात्याचे सचीव ई. वल्लावन, नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक डॉ. शमिला मोंतेरो, उपसंचालक श्रीमती शांती मकवाना, श्रीमती मेघा केरकर आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालक डॉ. शमिला मोंतेरो हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्रीमती मानसी चंदगडकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/422

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.